Panaji National News

20.01.2025 at 6.30 pm

धनखर

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी देशाच्या गिरेस्त दायज आनी शास्त्रीय भाशां कडेन परत जोडून सांस्कृतीक पुनर जागरणाची गरज आसा हाचेर भर दिलो. नवी दिल्लीच्या भवनांत आयज नंदलाल नुवाल सेंटर ऑफ इंडॉलॉजीच्या बुन्यादी सुवाळ्यांत उलयतना उपराष्ट्रपती धनखर हांणी भारतीय गिन्यान चो आनी ताच्या जागतिक द्दष्टिकोनाच्या परस्पर संबंध हाचेर भर दिलो आनी भारतान सदांच शांतताय आनी सौहार्दा खातीर यत्न केला अशें सांगलें. धनखड हांणी देशाच्यो प्राचीन भासो आनी साहित्य सांबाळपाचें म्हत्व अधोरेखित केले. वसाहतवादी कथांचेर आदारून रावचे परस इतिहासाक देशी द्दष्टिकोनातल्यान पळोवचो अशें सांगून ताणी तरणाट्यांक देशाच्या संस्कृताय आनी दायजाचो अभिमान बाळगूंक प्रोत्साहित केले.

जयशंकर

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. आयज वॉशिंग्टन डी.सी.त जपानचे परराश्ट्र मंत्री ताकेशी इवाया हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ. जयशंकर हांणी क्वाड संबंदीत द्विपक्षीय सहकार्याची प्रगती आनी उदरगत हांचे विशीं चर्चा केली. तशेंच ऑस्ट्रेलियन परराश्ट्र मंत्री पेनी वॉंग हांचे कडेन डॉ. जयशंकर हांणी भेट घेतली.

मांडविया

बहुराष्ट्रीय कंपन्यांकडच्यान थेट परकीय गुंतवणूक आकर्षित करून भारतान व्यवसाय करपाच्या सुलभतेत सुधारणा केल्या अशे केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी म्हणला. नवी दिल्लींत अनौपचारीक क्षेत्रांतल्या कामगारांक औपचारीकी करण आनी समाजीक

सुरक्षा कव्हरेज या विषयावेल्या दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय परिसंवादाचें उक्तावण केल्या उपरांत डॉ. मंडवीया हाणी हे सांगले. कसलोच भेदभाव करिनासतना कामगारांक समाजीक सुरक्षा ही सरकाराची प्राथमिकता आसा हाचेर तांणी उजवाड घालो. सरकाराच्या भलायकी सुरक्षा येवजणे खाला सुमार 60 कोटी लोकांचो आस्पाव आसा आनी तांकां पांच लाख रुपया मेरेन फुकट वैजकी उपचार मेळटात अशी म्हायती मंत्र्यांन दिली. कोणूच मुळाव्या अन्नधान्यापसून वंचित उरचो न्हय हे खातीर लोकांक सुमार 5 किलो अन्नधान्य दितात असो उल्लेख डॉ. मंडवीया हाणी केलो.

राजनाथ

तरणाटे देशाची संपत्ती, जे राष्ट्र निर्मिती आनी समृध्दी खातीर योगदान दितलेअशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी म्हणला. दिल्लींत एनसीसी प्रजासत्ताक दीस शिबिर 2025 त उलयताना राजनाथ सिंग हांणी सांगलें की भारताची संस्कृताय ताच्या 140 कोटी लोकांच्या एकचारान एकठांय बांदल्या, आनी दरेका व्यक्तीची उदरगत समाजाची उदरगत दाखयता.तशेंचउदरगतीच्या मार्गाचेर आशिल्ल्या राष्ट्राची बुन्याद आशिल्ल्यान शिस्त, एकचार आनी राश्ट्रीय अखंडतेक प्राधान्य दिवपाचे आवाहनूय तांणी लोकांक केले.

टपाल

भारतीय संविधान स्वीकारल्याच्या ७५ व्या वर्षाच्या उत्सवानिमित्त टपाल विभागान नवी दिल्लींत तीन दिसांची कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ही कार्यावळ नॅशनल फिलाटेलिक म्युझियमांत जाता आनी सगळ्या पिरायेच्या लोकांक वेगवेगळीं मजेशीर आनी आकर्शक कार्यावळी आसात. संविधानांत आस्पाव केल्ल्या मुल्यांचेर चिंतन करपाक नागरिकांक भाग करप आनी एकचार आनी राश्ट्रीय अभिमानाची भावना निर्माण करप हो हेतू आसा. ह्या महोत्सवा

वेळार प्रदर्शन, प्रश्नमंजुषा, टपाल तिकीट सफारी आनी पत्रलेखन सर्त घडोवन हाडटले.

संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य आयज फिलाटेलिक संग्रहालयाक भेट दिली. पत्रकारां कडेन उलयतना देशाक प्रगती आनी समृध्दीच्या मार्गाचेर व्हरपा खातीर भारतीय संविधान आमचें मार्गदर्शक अशें सिंधिया हांणी सांगलें. संविधान, फिलाटेलिकआनी इंडिया पोस्ट हांचे विशीं जागृय निर्माण करपा खातीर हें संग्रहालय विद्यार्थ्यांक हें संग्रहालयत हाडलां अशें तांणी सांगलें.

यादव

शाश्वत वर्तुळा कार अर्थवेवस्थ। देशाची उदरगत वाडोवंक शकता आनी फुडाराक आकार दिवंक शकता अशें पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींत शाश्वत ता विशींच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत उलयतना यादव हांणी म्हणलें की, वर्तुळा कार अर्थवेवस्थेंत संक्रमण हो पर्याय न्हय तर एक गरजेचो. तशेंच टिकावू उदरगत ध्येय (एसडीजी) साध्य करपाक ऑटोमोटिव्ह क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका मंत्र्यांनी अधोरेखित केली. बॅटरी चार्जिंगाचो पर्यावरणीय परिणाम उणो करपा खातीर स्वच्छ वीज निर्मिती म्हत्वाची अशें सांगून केंद्रीय मंत्र्यान ईव्ही खातीर नवीकरणीय उर्जेचें म्हत्व उक्तायलें. वायु प्रदुशणा आड झुजपाक रानीकरणाची म्हत्वाची भुमिका वळखून तांणी एक पेड माँ के नाम मोहिमे सारकिल्ल्या उपक्रमांत सक्रीयपणान वांटो घेवपाचो उलो मारलो.

पीएलआय

धव्या वस्तूं खातीर (एअर कंडिशनर आनी एलईडी लायटी) खातीर उत्पादन लिंक्ड प्रोत्साहन (पीएलआय) येवजणे खाला 3,516 कोटी रुपयांची गुंतवणूक करून 24 कंपनींची निवड केल्या अशें सरकारान सांगलां. ह्या कंपनींनी एअर

कंडिशनर घटकांचे धा आनी एलईडी लायटीचे आठ उत्पादकआसात अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलां. पीएलआय येवजणेच्या ऑनलायन अर्ज विंडोच्या तिसऱ्या फेरयेंत वट्ट 38 अर्ज आयले. धव्या वस्तूं खातीर पीएलआय येवजणे खाला वट्ट 84 कंपनी 10,478 कोटी रुपयांची गुंतवणूक हाडटली अशें मंत्रालयान सांगलां.